गोंय लोक सेवा आयोग

ईडीसी हावस, ब्लॉक 'सी',1लो मजलो, दादा वैद्य रोड, पणजी, गोंय – 403001.

संकेतथळः http://gpsc.goa.gov.in

**जायरात क्रमांक . 9A वर्स 2025**

**12/09/2025 दिसा प्रकाशीत**

सकयल दिल्ल्यां पदां खातीर ऑनलायन अर्ज मागयतात.

**सगळ्या पदां खातीर अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 26-09-2025 आसा.**

ऑनलायन अर्ज करपा खातीर आयोगाचें संकेतथळ https://gpsc.goa.gov.in वा गोंय सरकारचें पोर्टल https://cbes.goa.gov.in. चेर पळोवचें.

ऑनलायन अर्ज भरचे पयलीं, उमेदवारांनी आयोगाचे वॅबसायटीचेर उपलब्ध आशिल्ल्यो "सुचोवण्यो" जतनायेन वाचच्यो.

2. वेवसायीक महाविद्यालयां आनी भलायकी सेवा संचालनालयांत सल्लागार ह्या गट 'ए' पदां खातीर, कोंकणीचें गिन्यान आशिल्ले योग्य उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, हेर तरेन योग्य आशिल्ल्या उमेदवारांची शिफारस गोंय लोक सेवा आयोग करूंक शकता आनी ही अट सदळ करप गरजेचें वा ताकतिकेचें अशें सरकाराचें मत आसल्यार, गोंय लोक सेवा आयोगाचे शिफारशीचेर सरकार ही अट सदळ करूंक शकता.

3. विहीत शिक्षणीक पात्रताय ही फकत किमान पात्रताय आसा आनी फकत ही पात्रताय आसली म्हूण उमेदवार मुलाखतीक आपोवपाक पात्र आसतलेच अशें ना. अर्जांची संख्या चड आसल्यार, **"सुचोवण्यांत"** नमूद केल्ल्या प्रमाणें आयोग मुलाखतीक आपोवंक उमेदवारांची लघू वळेरी तयार करतले.

**टीप:1)** अर्ज योग्य रितीन भरल्या उपरांत, उमेदवारांनी सकयल दिल्ल्या प्रमाणें, अर्ज शुल्क भरचें पडटलें.

**ए) ऑनलायन**

- ऑनलायन फारीकणी करची.
- यशस्वी स्थिती दाखोवपी ई- पावती डावनलोड करची.

बी) ऑफलायन

- ई- चलन निर्माण करचें.
- गोंयांत आशिल्ल्या खंयच्याय एसबीआय फांट्यांत फकत निमाणे तारखेक वा ताचें आदीं रोख फारीकणी करची (ई- चलनाची वैधताय ई-चलन निर्माण जाल्या उपरांत सात दीस मेरेन आसतली)
- ह्या ई- चलनाचेर बँकेचो शिक्को गरजेचो आसा.
- अर्ज सादर करपाचे निमाणे तारखेक वा ताचे आदीं आयोगाच्या कार्यालयांत शिक्को मारिल्लें ई- चलन सादर करूंक जाय.

2) फारीकणी यशस्वी जाल्या उपरांतूच उमेदवारांक आपलो अर्ज डावनलोड करूंक मेळटलो.

3) निमाणे तारखे उपरांत शुल्क फारीक केल्लो अर्ज रोखडोच न्हयकारतले आनी हे फारीकणीचो परतावो जावचो ना.

4) अर्जांत उमेदवाराचो ईमेल नामो आनी मोबायल क्रमांक चुकयनासतना दिवंक जाय. आयोग उमेदवारांच्या अर्ज संबंदीत सगळे संपर्क ईमेल पत्त्याचेर/मोबायल क्रमांकांतल्यान धाडटलो. सगळया उमेदवारांक तांच्या अर्जा संबंदीत अद्यावत/ कळोवणी खातीर तांचे ईमेल/खातें/ मोबायल फोन/आयोगाची वॅबसायट नेमान तपासपाचो सल्लो दितात.

**टिप: जायरातीचे अणकारींत आवृत्तींत कसल्योय विसंगती दिसल्यार इंग्लीश आवृत्ती हीच प्रामाणीत अशें मानतलें.**

## <u>I.भौशीक भलायकी खातें</u>

**गोंय दंत महाविद्यालय आनी हॉस्पिटल (GOA DENTAL COLLEGE AND HOSPITAL)**

**1. समाजीक दंतवैजकी/ भौशीक भलायकी दंतवैजकी खात्यांत व्याख्यातो (Lecturer in Department of Community Dentistry / Public Health Dentistry) ... 2 पदां**

**(1- अनुसुचीत जमाती खातीर, 1 - हेर मागास वर्गीयां खातीर)**

**वेतन श्रेणी:** वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें **पिराय - 45 वर्सां परस उणी**

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक-** (i) दांत चिकित्सा कायदो 1948 चे (1948 चो 16 ) वळेरींतल्या भाग I आनी भाग II हातूंत आसपावीत केल्ली पात्रताय. (ii) डॅण्टिस्ट्रींत पदव्युत्तर पदवीची पात्रताय म्हणल्यार

मान्यताय प्राप्त संस्था वा तत्सम हातूंतल्यान संबंदीत विशेशतायेंत दांत शल्यचिकित्सेंत मास्टर. (iii) दांत मंडळा कडेन नोंदणीकृत आसूंक जाय. (iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिकः–** i) पदव्युत्तर पदवी उपरांत मान्यताय प्राप्त संस्थेंत एक वर्स शिकोवपाचो अणभव. (ii) मान्यताय प्राप्त दांत महाविद्यालय / वैजकी महाविद्यालय जंय दांत विभाग / दांत संस्था आसा, हातूंत निबंधक / ट्युटर / वरिश्ठ निवासी / निदर्शक म्हूण डॅण्टिस्ट्रीच्या संबंदीत विशेशतायेंत तीन वर्सांचो अणभव. iii) मराठीचें गिन्यान.

2. ओर्थोडोन्टीक्स खात्यांत व्याख्यातो (Lecturer in Department of Orthodontics) .....1 पद (अनारक्षीत)

**वेतन श्रेणी:** वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें पिराय- 45 वर्सां परस उणी

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक-** (i) दांत चिकित्सा कायदो 1948 चे (1948 चो 16) वळेरींतल्या भाग I आनी भाग II हातूंत आसपावीत केल्ली पात्रताय. (ii) डॅण्टिस्ट्रींत पदव्युत्तर पदवीची पात्रताय म्हणल्यार मान्यताय प्राप्त संस्था वा तत्सम हातूंतल्यान संबंदीत विशेशतायेंत दांत शल्यचिकित्सेंत मास्टर. (iii) दांत मंडळा कडेन नोंदणीकृत आसूंक जाय. (iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिकः–** i) पदव्युत्तर पदवी उपरांत मान्यताय प्राप्त संस्थेंत एक वर्स शिकोवपाचो अणभव. (ii) मान्यताय प्राप्त दांत महाविद्यालय / वैजकी महाविद्यालय जंय दांत विभाग / दांत संस्था आसा, हातूंत निबंधक / ट्युटर / वरिश्ठ निवासी / निदर्शक म्हूण डॅण्टिस्ट्रीच्या संबंदीत विशेशतायेंत तीन वर्सांचो अणभव. iii) मराठीचें गिन्यान.

**गोंय वैजकी महाविद्यालय**

चांचणी युनिटाचें प्रमुख (Head of Testing Unit) .......1 पद (अनारक्षीत)

**वेतन श्रेणी:** वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें पिराय- 45 वर्सां परस उणी

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक-** मान्यताय प्राप्त विद्यापीठ/ संस्थेतल्या मॅडिसिनांत(MD) (मायक्रोबायलॉजी / पॅथोलॉजी / बायोलॉजी) पदव्युत्तर पदवी.

वा

1. मान्यताय प्राप्त विद्यापीठ/संस्थेतल्यान फार्मसी वा विज्ञानांत(रसायनशास्त्र/ मायक्रोबायोलॉजी/ बायोलॉजी) पदव्युत्तर पदवी.
2. कॅमिल्युमिनेसॅन्स/एलिसा सारकिल्ल्या रक्त उत्पादनांची चांचणी एचआयवी, एचबीवी, एचसीवी खातीर रक्ताचें नमुने तपासप आनी सिफिलीस आनी मलेरिया हांची चांचणी करपांत अठरा म्हयन्यांचो वेव्हारीक अणभव आसूंक जाय.
3. कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छिक:– i) मराठीचें गिन्यान.

## II. कार्मीक खातें

**विधी खातें (कायदो वेव्हार) (LAW DEPARTMENT)**

**अवर सचीव (विधिमंडळ वेव्हार) Under Secretary (Legislative Affairs)** .....1 पद (अनारक्षीत)

**वेतन श्रेणी:** वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें **पिराय-** 45 वर्सां परस उणी

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक-** (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान कायद्याची पदवी वा तत्सम.

(ii) केंद्र/ राज्य सरकार खातें वा केंद्र शासीत प्रदेश प्रशासनांत कायदेशीर बाबींचो 7 वर्सांचो अणभव.

वा

(ii) वकील वा प्लीडर आशिल्लो आनी 4 वर्सांच्या काळा खातीर अशे तरेन काम केल्लो पात्र कायदो वेवसायीक आसूंक जाय.

ऐच्छिक:– i) पोर्तुगीज कायद्याचें गिन्यान (ii) मराठीचें गिन्यान.

## III. तंत्रिक शिक्षण संचालनालय

**गोंय कला महाविद्यालय**

**ललित कलेंत (फायन आर्ट) सहाय्यक प्राध्यापक (ऍप्लायड आर्ट) (Assistant Professor in Fine Art )** .....1 पद (मागास वर्गियांक खातीर आरक्षीत)

**वेतन श्रेणी:** रू.15,600-39,100+ GP 6,000/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें) **पिराय -** 45 वर्सां परस उणी

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** (i) संबंदीत शाखेचे पयले श्रेणींतल्यान बॅचलर आनी मास्टर पदवी वा पयले श्रेणीचे तत्सम वा एक तर बॅचलर वा मास्टर पदवीचे समान आनी संबंदीत वेवसायांत दोन वर्साचो चडांच चड अणभव आसूंक जाय. (ii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक -** मराठीचें गिन्यान.

## IV. उच्च शिक्षण संचालनालय

### सरकारी महाविद्यालय

हार्मोनियमांत(पेटी) **सहाय्यक प्राध्यापक** (Assistant Professor in Harmonium) ... 1 पद (2 रे फावटी)

**वेतन श्रेणी:** रू.15,600-39,100+6,000/-(पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें) **पिराय -** 45 वर्सां परस उणी

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** विदेशी विद्यापिठांतल्यान तत्सम पदवी वा भारतीय विद्यापिठांतल्यान संबंदीत विशयांत तत्सम ग्रेडींत मास्टर्स पदवी स्तर वा उण्यांत उणे 55% गुणां सयत बऱ्या शिक्षणीक वावराचें ज्ञान ii) सहाय्यक प्राध्यापकाचे नेमणुके खातीर आवश्यक आशिल्ली राष्ट्रीय पात्रताय परिक्षा (NET) / राज्य स्तरीय पात्रताय परिक्षा (SET) सक्तीची आसा. तथापी, "विद्यापीठ अनुदान आयोग नियमन 2009 चे मान्यतायेन (पीएच.डी पदवी मेळोवपा खातीर किमान प्रमाणन आनी प्रक्रिया) पीएच.डी पदवी प्रदान केल्ल्या उमेदवारांक, महाविद्यालयांत तत्सम स्थान वा सहाय्यक प्राध्यापकाची नेमणूक आनी भरती खातीर NET/SET ची किमान पात्रताय अटीचे आवश्यकतायेची सूट दितले.

iii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक -** (i) संबंदीत विशयांत पीएच.डी वा एम. फील. (ii) मराठीचें गिन्यान.

***पात्रतायेच्या हेतान आनी शिक्षक पदांचेर थेट भरती करतना बऱ्या शिक्षणीक नोंदीचें मुल्यांकन करूंक अनुसुचीत जमातीच्या वर्गाक पदवी आनी पदव्युत्तर पांवड्यार 5 टक्के शिथीलताय दिवंक शकता.**